# आकाशवाणी पणजी

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह केंद्रीय तपास ब्युरोन तयार केल्लें भारतपोल पोर्टल आयज नवी दिल्लींत सुरू करतले. इंटरपोला वरवीं आंतरराष्ट्रीय मजती खातीर केल्ल्या सगळ्या विनंतींचेर प्रक्रिया सुगम करतले. हातूंत इंटरपोलान जारी केल्ल्या तांबड्या आनी हेर रंग कोड केल्ल्या सुचोवण्यां संबंदीत प्रकरणांचो आस्पाव जाता. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गृहमंत्री अमित शाहान आयज इतिहासीक दीस कारण आयज केंद्रीय तपास ब्युरोन तयार केल्लें भरतपोल पोर्टल सुरू जातलें अशें सांगलां. हाका लागून भारतीय तपास एजन्सींची संवसारीक पावणी वाडटली आनी सगळ्यां खातीर सुरक्षीत भारत बांदपाचें मोदी सरकाराचें सपन साकार करपा खातीर तांकां नवी दिका मेळटली अशें तांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला केंद्र सरकारान देशांतल्या कायद्याची अंमलबजावणी करपी संस्था घटमूट करपा खातीर जायते म्हत्वाचे उपक्रम केल्यात अशें घरमंत्रालयान सांगलां. भारतपोल पोर्टला वरवीं आंतरराष्ट्रीय पुलीस मजत बेगीन मेळोवपा खातीर रियल टाईम म्हायती दिवन सक्षम करपी भारतीय कायदो अंमलबजावणी एजन्सींक म्हत्वाची सुविधा मेळटली. सायबर- गुन्यांव, अर्थीक गुन्यांव, संघटीत गुन्यांव, ड्रग्स वेव्हार, आनी मनीस वेव्हार ह्या सारके गुन्यांव वाडत आशिल्ल्यान गुन्यांवकारी तपासांत नेटान आनी रियल-टायम आंतरराष्ट्रीय मदतीची गरज आसा. ह्या आव्हानाक तोंड दिवपा खातीर सीबीआयन भारतपोल पोर्टल तयार केलां, जें सगळ्या भागधारकांक एक समान मंचाचेर हाडटलें. आंतरराष्ट्रीय मजल सोंपेंपणान आनी बेगीन मेळपाक सुविधा दिवन गुन्यांव आडावपाक भारताचे यत्न घटमूट जातले.

---

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांच्या अध्यक्षतेखाला येवपी केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 खातीर अर्थसंकल्पा पयलीं सल्लामसलती सोंपल्या. म्हयन्याच्या काळांत जाल्ली ही सल्लागार फाटल्या वर्सा 6 डिसेंबर सावन सुरू जाल्ली.व्यक्तिगत सल्लागारांच्या वेळार णव भागधारक गटांतल्यान शंबरां परस चड आमंत्रितांनी

बसकांनी वांटो घेतलो. तातूंत शेतकार संघटना आनी शेतकी अर्थशास्त्रज्ञ, कामगार संघटना, शिक्षण आनी भलायकी क्षेत्र, एमएसएमई, वेपार आनी सेवा, उद्देग, अर्थशास्त्रज्ञ, अर्थीक क्षेत्र आनी भांडवल बाजारपेठेचे तज्ञ आनी प्रतिनिधी हांचो आस्पाव जाता.मोलादीक सुचोवण्यो वांटून दिल्ल्या खातीर अर्थमंत्री हांणी भाग घेवप्यांचे उपकार मानले. केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 तयार करतना तांच्या सुचोवण्यांची बारीकसाणेन तपासणी आनी विचार करतले अशें तांणी तज्ञ आनी प्रतिनिधींक आश्वासन दिलें. 10 जानेवारी सावन नागरिकांनी केंद्रीय अर्थसंकल्प 2025-26 खातीर आपल्यो मोलादीक सुचोवण्यो आनी कल्पना mygov प्लॅटफॉर्माचेर सांगूं येतात. 'जन भागीदारी' ह्या भावनांनी अर्थसंकल्प तयार करपाची प्रक्रिया चड समावेशक करपाचो हेतू आशिल्ल्या ह्या वर्सुकी उपक्रमांत नागरिकांक सक्रीयपणान वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिलां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नवी दिल्लींत मायक्रोसॉफ्ट कंपनीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी सत्य नाडेला हांची भेट घेतली . सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी मायक्रोसॉफ्टाच्या देशांतल्या महत्वाकांक्षी विस्तार आनी गुंतवणूक येवजणेचेर खोशी उक्तायल्या. काल जाल्ले बसकेंत तांणी तंत्रगिन्यान, नवनिर्माण, आनी कृत्तीम बुद्धिमत्ता ह्या वेगवेगळ्या आंगां विशीं चर्चा केल्या अशें तांणी सांगलें.

---

कॅनडाचे प्रधानमंत्री जस्टीन ट्रूडो हाणी सत्ताधारी उदारमतवादी पक्षाचे फुडारी म्हूण राजिनामो दिल्ल्याची घोशणा केल्या. नवो फुडारी वेंचून येय मेरेन आपूण प्रधानमंत्री उरतलो अशें तांणी सांगलें. ट्रूडो 11 वर्सां उदारमतवादी पक्षाचे फुडारी आनी णव वर्सां तांका स्वताच्या पक्षांतल्या वांगड्यांकडल्यान बंडाक तोंड दिवचें पडलें आनी ताच्या धोरणांक लागूनय ते अलोकप्रिय जाले . काल ऑटवांत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ही घोशणा करतना , सगळे यत्न जाले तरी संसद म्हयनेभर पक्षाघात जाल्ली म्हणून आपणे हो निर्णय घेतला अशे ताणी सांगलें.

---

तमिळनाडूंत ह्यूमन metapneumovirus आचे दोन दुर्येती मेळ्ळ्यात. चेन्नयांत एक आनी सलेमांत दुसरो दुयेती मेळ्ळ्यात. हो नवो व्हायरस न्हय आनी 2001 वर्सा हो विशाणू मेळिल्लो अशे राज्य सरकारान पत्रकार परिशदेंत सांगलां. ह्या विशाणूचो संसर्ग स्वतापुरतो मर्यादीत आसता आनी सारखी जतनाय घेतल्यार वेवस्थापन करपाक मेळटा ताका लागून भिवपाची गरज ना अशे मुखार म्हळा. हो विशाणू पॉझिटिव्ह मेळिल्ले दोगाचीय भलायकी स्थिर आसा आनी तांचेर नदर दवरल्या. खॉकली आनी शिंकतना तोंड आनी नाक धांपप, मास्क घालप, सेगीत हात धुवप आनी भलायकी खात्याक अहवाल दिवप अशा हेर खंयच्याय श्वसन संसर्ग आळाबंदा हाडपाखातीर घेता तेच उपाय म्हत्वाचें अशे केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान दिल्ल्या शिटकावणेचो उल्लेख करून राज्य सरकारान सांगलें.

---

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक-खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयता. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो . हेर म्हाईती खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांची घोशणा विभाग पळोवचो.

---

मध्य प्रदेशांत 31 वी राष्ट्रीय बाल विज्ञान कॉँग्रेस आयज भोपाळांत सोंपली. चार दिसांच्या ह्या काय्यक्रमांत हजारांनी विद्यार्थ्यांक आपली प्रतिभा दाखोवपाची संद मेळ्ळी, ‘भलायकी आनी बऱ्यापणा खातीर पर्यावरण यंत्रणा समजून घेवप’ ह्या विशयाचेर विज्ञान आनी नवनिर्माणाचेर लक्ष केंद्रीत केलें.मॅपकोस्टाचे महासंचालक डॉ.अनिल कोठारी हांणी, ही कार्यावळ बाल शास्त्रज्ञां खातीर एक अद्भुत मंच, जंय तांची कल्पनाशक्त आनी नवनिर्मानाक नवी दिका मेळटा अशे सांगलें . फुडाराच्या शास्त्रज्ञांक तयार करपा खातीर हो कार्यक्रम एक म्हत्वाचें पावल

आसा . एकूण 640 विद्यार्थ्यांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतलो, जातूंत 194 प्रकल्प मॉडेल सादर केल्ले. 376 चलयो विद्यार्थ्यांनी तांच्या शास्त्रीय मॉडेला वरवीं वांटो घेतलो. 28 राज्यांनी आनी 6 देशांतल्या भुरग्यांनी सांस्कृतीक कार्यावळींनी वांटो घेतलो.

---

पर्यावरण, रान, आनी हवामान बदल राज्य मंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हांणी पार्वती अर्गा सुकणी अभयारण्यांत मंत्रालयाच्या पाणथळ विभागाच्या आनी उत्तर प्रदेशाच्या रान खात्याच्या अधिकाऱ्यां वांगडा पुनरावलोकन बसका घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांतमंत्री सिंग हांणी सांगलें, फुडल्या म्हयन्याच्या पयल्या आनी दुसऱ्या दिसा जावपी संवसारीक पाणथळ दीस मनोवपाची तयारी करपा खातीर ही बसका घडोवन हाडल्या. हो एक नियुक्त रामसर स्थळ आसून तातूंत उदकांतल्या आनी पक्षी प्राण्यांच्या जैवविविधतायेची गिरेस्त मांडावळ आसा अशें तांणी सांगलें. थळाव्या समाजाक गुंतवपाचो आनी पर्यावरणांत पाणथळाची कितली म्हत्वाची भुमिका आसा हाचे विशीं जागृताय करपाचो हेतू आशिल्ली ही कार्यावळ घडोवन हाडपाक अभयारण्य पुरायपणान तयार आसा अशें मंत्री सिंघ हांणी सांगलें.

---

तेलंगणा राज्यांत वट्ट 3 कोटी 35 लाख 12 हजार 53 लोकांची संख्या नोंद जाल्या, जाल्यार बायलां मतदारांनी आपल्या दादल्या समकक्षां परस चड आसा. राज्याचे मुखेल वेंचणूक अधिकारी सी सुधरशन रेड्डी हांणी काल सांजवेळा सगल्या 119 विधानसभा मतदारसंघांची निमाणी मसुदो वेंचणूक वळेरी जाहीर केली. राज्यांत 1 कोटी 68 लाख 67 हजारां वयर बायलां मतदार जाल्यार 1 कोटी 66 लाख 41 हजारां वयर दादले मतदार आसात.

---

महाराष्ट्र घरबांधवळ आनी सुवात उदरगत प्राधिकरणान मुंबय मंडळान मुंबय आनी ताच्या उपनगरांतल्या घरनिर्माण मंडळाक प्रलंबीत रावपाचे प्रमाणपत्र मेळोवपाक मजत करपा खातीर खाशेली अभय येवजण जाहीर केल्या. 10 एप्रील

2025 मेरेन लागू आशिल्ले हे येवजणेचो सुमार 80 घरबांधवळ सोसायटींक फायदो जावपाची शक्यताय आसा.